# लोकांच्या सोयीचें नवीन आधार अॅप राष्ट्राक समर्पित

ता. 29 जानेवारी 2026

वाणिज्य आनी उद्येग, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितिन प्रसाद हांणी आयज नवीन आधार अॅप राष्ट्राक समर्पित केले, जे लोकांक वळख पटोवपा खातीर सोयीचें आनी सुलभ आसा.

युनिक आयडेंटिफिकेशन अथॉरिटी ऑफ इंडिया (UIDAI) न विकसित केल्ले हे आधार अॅप फुडल्या पिळगेचें मोबायल अॅप्लिकेशन आसा जे आधार क्रमांक धारकांक तांची डिजिटल पद्दतीन वळख पटोवपाक एक सुरक्षीत, सोयीचो आनी गुप्ततायेक प्राधान्य दिवपी मार्ग आसा.

नवीन अॅपाचे अनावरण केल्या उपरांत श्री. प्रसाद हांणी UIDAI च्या ह्या तोखणायेच्या कार्याखातीर अभिनंदन केले आनी आधार हे सरकारा खातीर डिजिटल प्रशासनाची एक देख आशिल्ल्याचें सांगलें. UIDAI सेवा वितरण सुलभ करता आनी नवीन अॅप प्रक्रियेक आनीक गती मेळटली, अशें तांणी सांगलें. .

देशांत डिजिटल वळख प्रणाली ही फकत तांत्रिक सुविधा न्हय जाल्यार ती भौशीक विश्वास, सुशासन आनीनागरिकांच्या सक्षमीकरणाची सुविधा आसा. नवीन आधार अॅप नागरिकांच्या हातात नियंत्रण, संमती आनी सुविधा दिवन ह्या तत्त्वांक मूर्त रूप दिता.

MeitY चे सचीव एस कृष्णन हांणी नवीन अॅप डेटा कमी करपाक आनी सुरक्षिततेत वाड करपाक आनी आधार क्रमांक धारकांवतीन म्हायतीची निवडक शेअरिंगाक प्रोत्साहन दितले.

वापरपाक सुलभ आशिल्लें हे आधार अॅप ऑफलाइन व्हेरिफिकेशन सीकिंग एंटिटी (OVSE) QR कोड स्कॅनिंग पद्दतीन हॉटेल चेक-इन, चेहरो पडताळणी, सिनेमा तिकीट बुकिंग, पिराय पडताळणी, हॉस्पिटलांनी भेट दिवपी आनी परिचारिकांचो प्रवेश, गिग कामगार आनी सेवा भागीदारांची पडताळणी अशा अनेक वापराखातीर उपेगी आसा. पुराव्याखातीर फेस व्हेरिफिकेशन, एका क्लिकांत बायोमेट्रिक लॉक/अनलॉक, ऑथेंटिकेशन हिस्ट्री आनी संपर्क तपशील सहज शेअर करपाखातीर QR-आदारीत कॉन्टॅक्ट कार्ड ह्या सारख्यो प्रगत सुविधा अॅपात आस्पाव आसा.

यूआयडीएआयचे अध्यक्ष श्री. नीलकंठ मिश्रा, सीईओ श्री भुवनेश कुमार हांणी नवीन आधार अॅपाचे वैशिश्ट्य सांगलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/80

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.